# गोवा कोंकणी अकादेमीच्यो 2026-2027 अर्थीक वर्सा खातीर येवजण्यो जाहीर

ता. 29 मे 2026

गोवा कोंकणी अकादेमीन 2026-2027 ह्या अर्थीक वर्सा खातीर फुडल्यो येवजण्यो जाहीर केल्यात आनी इत्सूक लेखकांकडल्यान /प्रकाशकांकडल्यान अर्ज मागयल्यात, त्यो येवजण्यो अश्योः पयलो चंवर येवजण- (लेखकाचें पयलें पुस्तक उजवाडावपा खातीर 75% अर्थीक पालव), साहित्य प्रभा येवजण- (पुस्तक उजवाडावपा खातीर 70% अर्थीक पालव), प्रतिभा सन्मान येवजण- (प्रकाशन पालव- प्रकाशका कडल्यान पुस्तकां विकती घेवप- जानेवारी 2024 ते डिसेंबर 2025 मेरेनची पुस्तकां), बालसाहित्य प्रकाशन – (पुस्तक उजवाडावपा खातीर 70% अर्थीक पालव), कोंकणी नाटक -मांड येवजण –(पुस्तक उजवाडावपा खातीर 75% अर्थीक पालव), लोकवेद पुस्तक प्रकाशन येवजण- (लोकवेदाचीं पुस्तकां उजवाडावपा खातीर 70% अर्थीक पालव) आनी शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण – (शिक्षणीक पुस्तकां प्रकाशीत करपा खातीर 70% अर्थीक पालव) लिप्यांतरीत पुस्तकां प्रकाशन (70% अर्थीक पालव) , अणकारीत पुस्तक प्रकाशन 70% अर्थीक पालव). क्लारिसा वाज ई मोरेनास संशोधनवृत्ती गोवा कोंकणी अकादेमी पुस्तक उजवाडा हाडटात ते येवजणेक खाशेलें पुस्तक प्रकाशन, संगीत साहित्य पुस्तक प्रकाशन येवजण, दुर्मीळ साहित्य पुनर्उजवाडावणी, लोकवेद पुस्तक प्रकाशन, अणकारीत पुस्तक प्रकाशन, लिप्यांतरीत पुस्तक प्रकाशन, शिक्षणीक साहित्य प्रकाशन येवजण आनी वेंचीक पुस्तक प्रकाशन आनी बालसाहित्य प्रकाशन.

तशेंच इत्सूक संस्थाकडल्यान / विद्यार्थ्याकडल्यान अर्ज मागयल्यात, त्यो येवजण्यो अश्योः शिक्षणीक, बालसाहित्य, लोकवेद, अणकार, संगीत ह्या विशयाचेर कृतिसत्रां/शिबिरां आयोजना खातीर अर्थीक पालव (50 जाणाचे सोये खातीर 35 हजार रक्कम आनी 100 जाणाचे सोये खातीर 50 हजार रक्कम) लेखक विद्यार्थींचे भेटेक आनी विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक- (शिक्षणीक क्षेत्रांतल्या संस्थानी अर्ज करप), कोंकणी शिक्षणीक शिश्यवृत्ती – (बी.ए./ एम.ए./ पी.एच.डी.) पांवड्यांर गोंयांत शिकपी विद्यार्थ्या खातीर शिश्यवृत्ती), कोंकणी संगीत कार्यावळ निर्मीती- (संगीत क्षेत्रांत कार्य करपी संस्थेकडल्यान अर्ज ) कोंकणी संशोधनवृत्ती/ कोंकणी अभ्यास प्रकल्प.

तशेंच ह्या येवजण्यांची अर्जीपत्रां अकादेमीच्या गोवा संचार भवन,बी.एस.एन.एल.बिल्डींग, 5 वो माळो, पाटो, पणजी-गोंय हांगाच्या कार्यालयांत उपलब्ध आसात. इच्छूकांनी अर्ज बरोवन दिवपाची निमणी तारीख 23/06/2026 मेरेन आसतली, हाची नोंद सगळ्यांनी घेवची, अशें अकादेमीन जाहीर केला. अदीक म्हायती खातीर अकादेमीच्या – 7775891857 ह्या फोनाचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/380

--

---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.